# राज्यपालाकडल्यान ईदाची परबीं

ता. 20 नोव्हेंबर 2018
29 कार्तिक 1940

राज्यपाल डॉ. (श्रीमती)मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लीम भाव-भयणांक ''ईद-ई-मिलाद/मिलाद ऊन नबी'' च्या शुभ प्रसंगार परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ''महम्मद पैंगबर हे सद्‌गुण, सत्य आनी निःसुवार्थाचे प्रतिक आशिल्ले, जांणी शांतीकाय, भावपण आनी दया हया आदर्श तत्वांची शिकवण दिली. आयज संवसारात दुस्वास, हिंसा आनी जातीय तणावाच्यो घडणूको घडटा आसतना आमच्या जीणेत तांच्या हया तत्वांक चड म्हत्व आसा.

महम्मद पैंगबरान मानवी समाजाक दिल्ली उच्च मुल्यां आनी तत्वांची शिकवण आमी सगळयांनी आचरणात हाडपाक ईद-ई-मिलाद/मिलाद ऊन नबी हो योग्य प्रसंग आसा. हो शुभ दीस सगळयांच्या जीणेत चड शांतीकाय, समाधान आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1749